# राज्यपालाकडल्यान  गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं

ता. 24 डिसेंबर 2024

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक नातलांची उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, नातलांच्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक नातलांची उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता. जेजू ख्रिस्ताचो जल्म दीस म्हूण संवसारभर नातलांची परब मनयतात. ह्या दिसा इश्ट आनी कुटुंबातले वांगडी एकटाय येवन उमेदीन नातलांची परब मनयतात आनी सगल्यांमदी खुशालकाय पातळायतात.

जेजू ख्रिस्ताक परमेश्वराचो पूत मानतात, जांणी शांतीकाय, सहिष्णुताय, त्याग, मोग आनी भावपणाचो ईश्वरी संदेश दिला. नातलां आमकां इश्ट आनी कुटुंबांमदी दिवप-घेवप करपाच्या परंपरेचो उगडास करून दिता. नातलांची परब जात-पात भेदभाव करीनासतना आमच्या देशांत धार्मिक भावनेन आनी उमेदीन मनयतात. नातलांची परब सगल्यांमदी एकजूट निर्माण करता.

ह्या उमेदीच्या प्रसंगार आमी जेजू ख्रितान आमकां दिल्ल्या मोलादीक संदेशाचे आचरण करूया, जे वरवीं मानवी समाज चड खुशालभरीत आनी शांतीकायेचो जातलो. ह्या वर्सा नातलांची परब सगळ्यांच्या जीणेत खुशालकाय, शांतीकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/720

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.